# <u>शिखा पांडे हांका दिलीप सरदेसाय  उत्कृश्ट खेळा पुरस्कार प्रदान</u>

**पणजी, 30 ऑगस्ट २०१८**
**भाद्र ८,१९४०**

खेळा आनी युवा संचालनालयान काल राष्ट्रीय खेळा दिसा निमतान आयोजीत केल्ल्या सुवाळ्यांत आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट खेळगडी शिखा पांडे हांकां २०१७-१८ वर्साचो  दिलीप सरदेसाय खेळा पुरस्कार भेटयलो.

खेळा मंत्री श्री. मनोहर आजगांवकार हांणी जलस्त्रोत मंत्री श्री. विनोद पालयेकार, प्रो. नंदिनी सरदेसाय, खेळा आनी युवा वेव्हार खात्याचे संचालक श्री. वी.एम. प्रभुदेसाय,  खेळा आनी युवा वेव्हार खात्याचे सहाय्यक संचालक श्री. गुरुदास वेर्णेकार आनी माजी फुटबॉलपटू श्री. ब्रम्हानंद शंखवाळकार हांचे उपस्थितींत हो पुरस्कार भेटयलो.

रोख  दोन लाख रुपया आनी कास्याचें स्मृतीचिन्ह ह्या पुरस्काराचें स्वरुप आसा.

शिखा पांडेची तुस्त करताना प्रतिभाशाली तरणाट्यां खातीर उत्कृश्ट कामगिरी खातीर प्रशिक्षणाची सामकी गरज आसा अशे श्री. आजगांवकार हांणी हे वेळार उलयतना सांगलें. राज्य सरकारान उपलब्ध केल्ल्या खेळा साधन सुविधांचो तरणाट्यांनी चडांत चड लांव घेवचो तशेंच सगळया तरणाट्यांनी शिक्षणा वांगडाच खेळा मळारुय आपली प्रतिभा दाखोवची अशें आवाहन केलें.

श्री. विनोद पालयेकार हांणी शिखा पांडे हांच्या खेळा मळार केल्ले कामगिरीची तुस्त केली आनी तांका हो पुरस्कार भेटोवप म्हटल्यार एक व्हड अभिमानास्पद गजाल जावन आसा अशेंय तांणी म्हटलें. हे वेळार प्रो.नंदिनी हांचेय उलोवप जाले.

शिखा पांडे हांणी पुरस्कार स्विकारताना पालक, सोयरी आनी विशेश करुन प्रशिक्षकांचे उपकार मानले. वेवसायीक क्रिकेटर म्हूण आपली सुरवात मातशी उशिरा जाली. तरणाट्यांची आव्हाना स्विकारपाची तयारी आसली जाल्यार स्वप्ना आपूणच पुराय जाता. स्वप्ना साद्य करप अशक्य ना. देशाची सेवा करप आनी देशाची ब्लू जर्सी घालप ही दोनूय स्वप्ना पुराय जाली अशें तांणी फुडें आपल्या उलोवपांत सांगलें.

श्रीमती. सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केलें. खेळा आनी युवा वेव्हार खात्याचे संचालक श्री. व्ही.एम. प्रभुदेसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. गुरुदास वेर्णेकार हांणी उपकाराचें उलोवप केलें.